pradeshik 06.03.2025 @ 7.20 pm

Rashmi १३०

गोयात पशुवैजकिय सहय्याकच्यो सुवातो कंत्राति पद्ध्तिन भरतले तशेच गोंयात कंपनीनी वा हेर भरती खातीर जायरात दीतना रोजगार विनीमय केंद्राक म्हायती दींवक ना जाल्यार 5 ते 30 हजार रूपया दंड दीवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.गोंयकारांक खाजगी मळार रोजगाराची संद मेळपाक जाय ह्या हेतान हो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ते मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. हे शिवाय म्हापसा अर्बन कोपरेटीव्ह बँकेची म्हापसा आशील्ली नंदादीप ही बील्डींग गोय सरकार 25 कोटी रूपयांक घेवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. गोंय धर्मिक महोत्सवाखातीर देड कोटी रूपया, तशेच सेंट फ्रान्सीस झेवीयर एक्सपोझिशनाखातीर अयाल्ल्या 5 कोटी रूपया खर्चाक मंजुरी,पणजो रूआ- दे -ओरेम करवेन्शन सेंटराच्या लीजाक मंजुरी,आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मंजुरी दील्या. पर्वरेच्या देव खाप्रेश्वरराचे मंदीर सरकार बांदुन दीतले,देवळाच्या समितीन देवळाखातीर नवीन सुवात सोदुन दीतकच देऊळ बांदपाचे काम सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

सुशांत १४०

गोवा बॉडीबिल्डिंग आनी फिटनेस असोसिएशनान घडोवन हाडिल्ली तिसरी मिस्टर गोवा 2025 बॉडीबिल्डिंग चॅम्पियनशीप शेनवारा 8 मार्चाक मडगांवच्या लोहिया मैदानाचेर जातली. हे सर्ती खातीर वेगवेगळ्या वर्गांत वट्ट 4.5 लाख रुपया रोख इनामां प्रायोजीत केल्यांत अशी म्हायती संघटनेचे चेअरमन योगीराज कामत हांणी आयज मडगाव हांगा जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली. ह्यावेळार संघटनेचे अध्यक्ष संजय रायकर, उपाध्यक्ष खुशाली विर्डीकार, गोविंद लोटलीकार, हृषीकेश देसाय आनी हेर मानेस्त हाजीर आसले. सांजवेळा ७ वरांचेर हे सर्तीक सुरुवात जातली. ही सर्त दादले आनी बायलां खातीर उक्ती आसून ती कनिश्ट,

वरिश्ठ, मास्टर्स, विशेश गट आनी उक्तो गट अशा पांच विभागांनी जातली. हे सर्ती खातीर ट्रॉफीचे आयज योगीराज कामत हांणी उक्तावण केलें. फाटलीं दोन वर्सां ही सर्त घडोवन हाडटा आनी दर वर्सा हे सर्तीक प्रतिसाद वाडत आसा अशें कामत हांणी सांगलें. सध्या बॉडी बिल्डिंग लोकप्रिय जावपाक लागल्या आनी तेच प्रमाण सर्तीं वेळार प्रेक्षकांची व्हड प्रमाणांत उपस्थिती मेळटा अशें कामत हांणी सांगलें.

प्रसाद१३०

फोंडा तालुका अंत्रूज शिगमोत्सव समितीच्या महोत्सव कार्यालयाचें उक्तावण कृशी मंत्री रवि नायक हांणी केले. ह्या वेळार फोंडाचो नगराध्यक्ष आनंद नाईक, नगरसेवक रितेश नायक, फोंडा तालुक्या अंत्रूज शिगमोत्सव समितीचे खजिनदार हनुमंत नायक, किरण नायक, आयोजक समितीचो सचीव गुरुनाथ नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना कृशी मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें, की शिगामोत्सव ही गोंयची परंपरा आनी गोंयच्या दरेका समाजांतले लोक ह्या उत्सवांत वांटो घेतात. शिगामो उत्सव हो गोंयचे संस्कृताय आनी एकचाराचें प्रतीक आनी ही संस्कृताय तिगोवन दवरून फुडले पिळगे मेरेन पावोवपाचें आवाहन तांणी दरेक पिळगेक केलें. गोंयांत शिगमोत्सव फोंडा सावन सुरू जाता. गोमंतकिया शिगमो महोत्सवाक अंत्रूज शिगमो महोत्सवातल्यान सरकारी मान्यताय मेळ्ळ्या अशेंय तांणी सांगलें. ह्या प्रसंगाचेर फिती कापून कार्यालयाचें उक्तावण कृषिमंत्री रवी नाईक हाणी केले . अंदूं शिगमोत्सव आनी रोमटामेळ सर्त शेनवार 15 तारखेक सांजवेळा तिस्क फोंडाच्यान सुरू जातली.

राजेश ११०

गोंय सरकारचे कला आनी संस्कृती खातें, वेस्ट झोन कल्चरल सेंटर उदयपूर, नॉर्थ झोन कल्चरल सेंटर दिमापुर आनि रवींद्र भवन साखळी ह्यांच्या जोडपालवान फाल्या 7 मार्च  ते 9 मार्च या तीन दिसात "ओक्टेव 2025 " ही सांस्कृतिक कार्यवळ आयोजित केल्या. साखळीच्या रवींद्र भवानात उभारलेल्या भव्य माच्येर तीन दिस ही सांस्कृतिक कार्यावळ फाल्यां सात मार्चक सांजे साडे स वरांचेर मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातलें. या उक्तावण सुवाळ्यात मुख्यमंत्री वांगडा गोंय सरकारच्या कला आणि संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे ,कला आणि संस्कृती खात्याचे सचिव, रवींद्र भवन साखळीचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर आनि हेर मानेस्त हजर आसतले. तीन दिस चलपी या कार्यक्रमाक कलाप्रेमींनी व्हडा संखेन हजर रावचें अशे आवाहन आयोजकानी केलां.

सुभाश १२०

गोवा कोंकणी अकादेमी आनी राजभास संचालनालयान वाकोच्या एम. ई. एस. वसंत जोशी कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या पालवान डॉ. मनोहरराय सरदेसाय : जिवीत आनी साहित्य ह्या विशयाचेर एक राष्ट्रीय परिसंवाद आयोजीत केला. १२ मार्चाक हो एका दिसाचो राष्ट्रीय परिसंवाद जातलो. उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण नामनेचे साहित्यीक आनी गितकार उदय भेंब्रे हाजीर रावतले. गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत भगवंत सावंत मानाचे सोयरे म्हूण उपस्थित आसतले.कोंकणी विभाग प्रभारी सत्यवान स. नायक राष्ट्रीय परिसंवादाचे संयोजक म्हूण काम पळयतात. खास आमंत्रीत म्हूण धेपे उच्च माध्यमीक विद्यालयाच्यो उप-प्राचार्य, माया सरदेसाय हाजीर आसतल्यो. सांजे जावपी समारोप सुवाळ्याक शशिकांत सरदेसाय (निवृत्त प्राचार्य, एस. एस. धेंपो म्हाविद्यालय , डॉ. मनस्वी कामत प्राचार्य एम. ई. एस. म्हाविद्यालय आनी हेर मानेस्त हाजीर रावतले. ह्या राष्ट्रीय परिसंवादात

सकाळी आनी सांजे अश्या दोन सत्रांनी वेगवेगळ्या विशयांचेर प्रपत्र वाचन जातलें.

DIP 110

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान 2025 वर्साच्या थारावीक दिसांनी रातची 10.00 ते 12.00 वरा मजगती लाऊडस्पिकर वा भौशीक संबोधन उपकरणांचो वापर करपाक परवानगी दिवपी आदेश जारी केला.4 मार्च कार्नव्हालाचो निमाणो दीस, 20 एप्रिल ईस्टराचो आदलो दीस, 28 ऑगस्ट गणेश चतुर्थी विसर्जनाचो दुसरो दीस आनी 31 ऑगस्ट  गणेश चतुर्थी विसर्जनाचो पाचवो दीस, 6 सप्टेंबर अनंत चतुर्दशी, 1 ऑक्टोबर नवरात्रीचो निमाणो दीस, 19 ऑक्टोबर दिवाळीचो आदलो दीस, 21 आनी 22 नोव्हेंबर इफ्फी, 24 डिसेंबर नाताळाचो आदलो दीस आनी 28 ते 31 डिसेंबर नवें वर्स आदले दीस, ह्या सांस्कृतीक/धार्मिक उत्सवांच्या दिसां खातीर ही परवानगी आसतली.संबंदीत ग्रामपंचायत, नगरपालिका, म्हापालिका वा गोंय राज्यांतल्या व्यक्तीन केल्ल्या अर्जा प्रमाण परवानगी दितले. आवाजाच्या प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा कातीर संबंदीत अधिकाऱ्यांची देखरेख आसतली. नेम मोडटल्यांचेर कायदेशीर कारवाय जातली.

DIP 120

दक्षीण गोंयच्या साश्ट म्हालातल्या सांव जुजे द आरियल पंचायतीचो वार्ड- 2 आनी सांगे म्हालातल्या नेतुर्ली पंचायतीचो वार्ड- 5 खातीर 9 मार्च 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बारां ता. 8, 9 आनी 10 मार्च 2025 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार काऊंटर बंद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

संतोश ६५

येता त्या आयतारा गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या जोड पालवान मुरगांवा फुकत वैजकि शिबीर घडोवन हाडला.मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हाणें आयज ही म्हायती दिली. ते दिसा सकाळी ११ वरांचेर भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकी ह्या शिबिराचें उक्तावण जातलें. ह्या शिबिरांत गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे १८ दोतोर मार्गदर्शन करतले जातुन आयुर्वेदासयत विंगड विंगड दुयेंसांचो आसपाव आसा. हें शिबीर सडा हांगसल्ल्या पुनर्वसन म्हामंडळ कॉलनी लागसार जातलें म्हायती आमदार संकल्प आमोणकार हाणें दिल्या.

ह्वामान ५०

पणजेच्या वेधशाळेन नोंद केले प्रमान आज सर्वाधिक तापमान 36.8 डिग्री सेलसीयस आनी किमान न daboli त 25 डिग्री सेलसीयस आशीलले. हवेतळी आद्रता 95 टक्के आसा. उत्तर आनी  दक्षिण गोंयचे हवामान सुकें आसपाची शक्यताय आसा आनी चडांत चड तापमान 35-37 अंश सेल्सियस मदीं वाडपांची खूब शक्यताय आसा.  सकाळीं उथळ ते मध्यम धुकें आसू येता

Dip 2५०

राज्यात सध्या गरमि खुप वाद्ल्या. खास करून जाण्टे आनी भुरग्यांनी गरमेच्या उबाळापासून त्रास जावचे न्हय म्हूण जतनाय घेवपाची खुप गरज आसा. उश्णतान हिट स्ट्रोक येवप तशेंच हेर त्रास जावपाची शक्यता आसता. उबाळापासून वाचपाक हलक्या वजनाचे, हलक्या रंगाचे आनी सदळ सूती कपडे घालचे. घरात आनी खास करून रांदचे कुडींत हवा खेळटी उरपा खातीर दारां आनी जनेलां उकती दवरची. जनेलांक पडदो कपडो वा चादर बांदची.

डिहायड्रेशन टाळपा खातीर भरपूर उदक, फळांचोज्युस, ताक, लस्सी, वा हेर पातळ द्रव्यां पिवची. वताक वा गरमेच्या वातावरणात शारिरीक त्रासाचे चड काम करपाचे टाळचे वा मदि मदि विसव घेवचो. दनपारा कडक वतात शक्य तीतले भायर

वचचे टाळचे. भायर काम करतना वा शारिरीक व्यायाम करतना, चड जतनाय घेवची. तान लागूक नासली तरी उदक/ज्युस पिवचो. आनि सोरो पिवप टाळचे. स्तनपान करपि भुरग्यांक गरमेच्या दिसांनी चड वेळा दुध दिवचे . स म्हयन्या वयल्या पुरक आहार खावपि भुरग्यांक मदल्या वेळार थोड्या प्रमाणात गरम केल्ले थंड उदक दिव येता . ल्हान भुरग्यांक न्हीदपाखातीर घरातली थंड सुवात वेचची. स म्हयन्या वयल्या ल्हान भुरग्यांक दिसभर पातळ द्रव्यां दित रावचे. भुरग्यांक दनपारच्या वेळार वताक खेळपाक दिवचे न्हय. गरमेक लागून तकली सणसणप, घुंवळ येवप, गरमी आसतना लेगीत ना घामेवप, कातडी तांबडी वा खरखरीत जावप, स्नायु दुबले जावप, अंगांक मुयो येवप, ओकारि येवप, काळीज धदधद्प, स्वास घेवपाक त्रास जावप, मानसीक गोंधळ जावप, सुद हरप आनी हेर त्रास जाले तर त्या व्यक्तीक वारो घोळपी उकत्या जाग्यार वा थंड, सावळी आशिल्ल्या जाग्यार व्हरचे. ताच्या आंगावयले जादा कपडे काडचे. ताच्या कुडीचे तापमान देवोवपा खातीर फॅन चालू करून उदक वा झेलाच्या वल्या कपड्यान आंग पुसचे. स्वास घेवपाक चड त्रास जावप, बेशुध्द जावप अशा वेळार लागीच्या भलायकी केंद्राचेर व्हरचें.

Head lines

गोंयात कंपनीनी वा हेर भरती खातीर जायरात दीतना रोजगार विनीमय केंद्राक म्हायती दींवक ना जाल्यार 5 ते 30 हजार रूपया दंड दीवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.

गोवा बॉडीबिल्डिंग आनी फिटनेस असोसिएशनान घडोवन हाडिल्ली तिसरी मिस्टर गोवा 2025 बॉडीबिल्डिंग चॅम्पियनशीप शेनवारा 8 मार्चाक मडगांवच्या लोहिया मैदानाचेर जातली.

7 मार्च ते 9 मार्च या तीन दिसात "ओक्टेव 2025 " ही सांस्कृतिक कार्यवळ साखळीच्या रवींद्र भवानात आयोजित केल्या.

वर्साच्या थाराविक दिसांनी रातची 10.00 ते 12.00 वरा मजगती लाऊडस्पिकर वा भौशीक संबोधन उपकरणांचो वापर करपाक परवानगी दिवपी आदेश जारी

---------------